**<u>कला आनी संस्कृती खात्याचे युवा सृजन पुरस्कांर जाहीर</u>**

ता. 14 डिसेंबर 2022

गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयांन 2022-23 वर्सा खातीरचे राज्य युवा सृजन पुरस्कांर जाहीर केल्यात. कला आनी संस्कृती संचालनालयावतीन साहित्य, संगीत, नाटक, तियात्र, चित्रकला, छायचित्रण, लोककला अशां मळार उत्कृश्ट योगदान दिवपी 45 वर्सां सकयल्या व्यक्तिंची ह्या पुरस्कारांखातीर निवड करतात.

2022-23 च्या युवा सृजन पुरस्काराखातीर यतीन शेणवी तळावलीकर, साश्ट (संगीत), श्रीमती आरती दीपक गावडे, फोंडे (नाटक), कु. मिना हेलॉन गोंयश, साश्ट (तियात्र), महेश सतरकर, फोंडे (लोककला), वासुदेव शेट्ये, पेडणे (चित्रकला) आनी गणेश शंकर शेटकर, सत्तरी (फोटोग्राफी) हांची निवड जाल्या.

रोख 25,000/- रूपया, प्रशस्तीपत्र आनी यादस्तीक अशें पुरस्काराचे स्वरूप आसा. पुरस्कार वितरणाची तारीख उपरांत कळयतलें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/785

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji